*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**पुलीस हुतात्मा दीस पाळपात आयलो**

ता. 21 ऑक्टोबर 2019

पणजे पुलीस मुख्यालयाच्या मैदानाचेर आयज आयोजीत कार्यक्रमात 61 वो पुलीस हुतात्मा दीस पाळपात आयलो. 1959 वर्सा चीनान केल्ल्या आक्रमणा वेळार मरण आयिल्ल्या केंद्रीय राखीव पुलीस दळाच्या जवानांच्या उगडासाक प्रत्येक वर्सा 21 ऑक्टोबराक पुलीस हुतात्मा दीस पाळटात.

पुलीस महासंचालक श्री. प्रणब नंदा हांणी पुलीस हुतात्म्यांक आगाँ ओपून आपले कर्तव्य बजावताना देशाच्या वेगवेगळ्या वाठारांत 1 सप्टेंबर 2018 ते 31 ऑगस्ट 2019 मेरेन मरण आयिल्ल्या 292 पुलीस जवानांची नांवा वाचली आनी उपरांत हुतात्म्यांक मानवंदना दिली.

हुतात्मा दीस संचलना उपरांत पुलीस महासंचालक आनी हेर पुलीस अधिकाऱ्यांनी हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पचक्र ओपले.

21 ऑक्टोबर 1959 वर्सां चीनी सैनिकांनी लडाखातल्या भारतीय पुलीस चौकीचेर घुरी घातली आनी ह्या आक्रमणात 10 भारतीय पुलीस जवानांक मरण आयले. ह्या हुतात्मा जाल्ल्या पुलीस जवानांच्या उगडासाक केंद्र सरकारान पुलीस हुतात्मा दीस पाळपाचो निर्णय घेतलो आनी प्रत्येक वर्सा हो दीस देशात सगळीं कडेन पाळटात.

आयज जाल्ल्या पुलीस हुतात्मा दीस संचलन कार्यक्रमाक गोंयचे हुतात्मे सर्गेस्त बलराम बी. शिंदे आनी सर्गेस्त अभिषेक गोम्स हांच्या कुटुंबीयांक आमंत्रीत केल्ले.

हे वेळार उलयताना पुलीस महासंचालक श्री. प्रणब नंदा हांणी गोंय राज्यांतल्या नागरिकांक आपले कर्तव्य बजावताना आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या पुलीस जवानांची म्हायती जाणून घेवपा खातीर प्रधानमंत्र्यानी डिसेंबर 2015 त सुरू केल्ल्या भारतीय पुलीस सेवेच्या www.police.gov.in ह्या संकेत थळाक भेट दिवपाचो उलो मारलो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/713